आकाशवाणी पणजी

08/05/2025

राष्ट्रीय  खबरो

6.30 PM

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी राश्ट्रीय सुरक्षा संबंदीत घडणुकांचे फाटभूयेर  राष्ट्रीय तयारी आनी आंतर मंत्रालयीन समन्वयाचेर नियाळ घेवपा खातीर आयज सरकाराच्या वेगवेगळया मंत्रालयांच्या आनी खात्याच्या सचीवां वांगडा उच्चल्या पांवड्यावेली बसका घेतली. हे बसकेंत श्री मोदी हांणी कार्यकारी सातत्य आनी संस्थांची लवचीकता तिगोवन दवरपा खातीर मंत्रालयां आनी सस्थामदीं समन्वयाच्या गरजेचेर ताणी भर दिलो. तशेंच सध्याचे परिस्थितीक तोंड दिवपा खातीर मंत्रालयांनी केल्ल्या नियोजनाचो आनी तयारीचोय नियाळ घेतलो. हे बसकेंत नागरी संरक्षण वेवस्था घटमूट करप, चुकीची म्हायती आनी फेक न्यूज आडावपाचे यत्न करप मुळाव्या साधनसुविधांची सुरक्षीतताय सुनिश्चीत करप अश्या वेगवेगळया विशयांचेर चर्चा जाली. प्रधानमंत्र्यान तयारी, आपत्कालीन प्रतिसाद आनी अंतर्गत संचारण प्रोटोकॉलाचेर खासा लक्ष केंद्रीत करून गरजेच्या यंत्रणेच्या सुचारू कार्यपद्दत सुनिश्चीत करपाक सचीवांक निर्देश दिले. देश संवेदनशील काळांतल्यान वता तेन्ना सतत सादूरताय, संस्थांनी समन्वय आनी स्पश्ट संवाद सादचो असो उलो प्रधानमंत्री हांणी केला.

ऑपरेशन सिंदूराचे फाटभुंयेर सरकारान आयज आयज नवी दिल्लीच्या संसदेंत सगल्या पक्ष फुडाऱ्यांवांगड बसका घेतली . हे बसके वेळार संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंग हाणी ऑपरेशन सिंदूरविशी  भारताची भुमिका स्पश्ट केली. बसकेंत  सगल्या राजकी पक्षांच्या फुडाऱ्यांनी आयज ऑपरेशन सिंदूराची तोखणाय केली आनी भारतीय सशस्त्र दळांच्या दहशतवादाआड कारवायेक एकमतान तेंको दिला अशें संसदीय वेव्हार मंत्री किरेन रिजिजू हांणी सांगलें. हे बसकेंत घरमंत्री अमित शाह, विदेश व्यवहार मंत्री डॉ. एस. जयशंकर, राज्यसभेचे विरोधीपक्ष फुडारी आणि काँग्रेस अध्यक्ष मल्लिकार्जुन खरगे, लोकसभेचे विरोधी पक्षफुडारी राहुल गांधी  तशेच समाजवादी पक्ष, तृणमूल काँग्रेस, द्रविड मुनेत्र कळघम, जनता दल युनायटेड आनी हेर पक्षफुडारी हाजीर आशिल्ले.

शेतकारांक आरविल्ले  तंत्रगिन्यान आनी नव्या बियाचे  जाती विशीं जागृताय करपा खातीर 29 मे सावन 12 जून मेरेन देशभरांत 'विकसित  कृशी संकल्प अभियान' मोहीम चालीक लायततले अशें केंद्रीय कृशी मंत्री शिवराज सिंग चौहान हांणी सांगलें. नवी दिल्लींत जाल्ल्या राष्ट्रीय कृषी-खरीप मोहीम २०२५ या कृषी परिषदेक ताणी मार्गदर्शन केलें.  ह्या मोहिमेखाला देशातल्या 700 जिल्ह्यांतल्या सुमार देड कोटी शेतकारांमेरेन  पावपाचे यत्न जातले तेखातीर केंद्र सरकार राज्यांच्या सहकार्यान शेती शास्त्रज्ञ, अधिकारी आनी प्रगतीशील शेतकार सयत हेर दोन हजार पंगड तयार करतले अशें तांणी सांगलें. सगळ्या मुखेल पिकांची उत्पादकता आनी उत्पादन वाडोवपा खातीर शेती सेवा सुदारपाचेर ताणी  भर दिलो.

भारत संवसारांतलो तिसरो व्हड वाहन उत्पादक देश आसा अशे केंद्रीय रस्तो येरादारी आनी म्हामार्ग मंत्री नितीन गडकरी हांणी सांगलें,. नवी दिल्लींत जाल्ल्या चवथ्या आंतरराष्ट्रीय बीबीबी शिखर परिषदेत जैव उर्जा मोल साखळी प्रदर्शनांत ताणी उलोवप केले . देशांतलो मोटार उद्दोग सतात्यान वाडत आसा हाचेर तांणी भर दिलो.

पाकिस्तानान काल रातीं सावन उत्तर आनी अस्तंत भारतांतल्या जायत्या लश्करी लक्ष्यांचेर ड्रोन आनी क्षेपणास्त्रांचो उपेग करून हल्लो करपाचो यत्न केलो. जम्मू-काश्मीरांतल्या कुपवाड़ा, बारामुल्ला, उरी, पुंछ, मेंधार आनी राजौरी वाठारात  पाकिस्तानान नियंत्रण रेशेचेर फारफेटाची तीव्रताय वाडयल्या अशे संरक्षण मंत्रालयान म्हळा.ह्या फारपेटात  तेरा जाणक मरण आयले जाल्यार  59 जण जखमी जाल्यात .

इतले मजगती प्रत्यूतरादाखल आयज भारतीय सशस्त्र दळान पाकिस्तानांतल्या जायत्या सुवातींनी हवाई संरक्षण रडार प्रणालींक लक्ष्य केलें आनी लाहोरांतली हवाई संरक्षण प्रणालीं निश्क्रीय केल्याची म्हायती संरक्षण मंत्रालय दिल्या. तशेच भारतांतल्या लश्करी लक्ष्यांचेर जावपी खंयच्याय हल्ल्याक फावो ती जाप मेळटली अशें संरक्षण मंत्रालय सांगलें.

अमृतसरांतल्या लश्करी तळाचेर जाल्ल्या हल्ल्याविशी फटीची  खबर  आनी व्हिडियो पाकिस्तान पातळायता, पूण हो व्हिडियो 2024 वर्सा रान उज्याचो आसा तशेच पाकिस्तानांतल्या वेगवेगळ्या सोशल मिडिया plateformcher  भारतीय ड्रोन उडयल्याचो फोटो शेअर करून केल्ले दावे सरकारान न्हयकारल्यात. पत्र आणि सूचना कार्यालयाच्या तथ्य तपासणी युनिटान प्रसारीत जावपी फोटो हो 2022 वर्सा युक्रेन-रशिया संघर्शाचो आशिल्याची पुष्टी केलां . देखून नागरिकांनी सोशल मिडियाचेर प्रसारीत जावपी म्हायती विशी सरकारी संकेतथळा वेयल्यान खात्री करची अशें आवाहन केला .

उत्तराखंडांतल्या उत्तरकाशी जिल्ह्यांतल्या गंगनानी वाठारात आयज जाल्या खाजगी हेलिकॉप्टर अपघातांत स जाणांक मरण आयलें जाल्यार एक जण जखमी जालो. ह्या हेलिकॉप्टरांतल्यान पायलटा सयत सात जाण प्रवास करताले. हें हेलिकॉप्टर देहरादूनांतल्या सहस्रधारा हेलीपॅडा वयल्यान चारधाम यात्रेकरुंक गंगोत्रीक व्हरतालें. मजगती उत्तराखंडाचे मुख्यमंत्री पुष्कर सिंग धामी हांणी हे दुख्खद घडणुकेविशी दुख्ख उक्तायल्या आनी घडणुकेची चवकशी करपाचो आदेश दिला.

भारत आनी इराण हांचे मदीं जावपी विसाव्या जोडआयोगचे बसकेखातीर इराणचे विदेश मंत्री डॉ.अब्बास अराघची दोन दिसांच्या भारत भोंवडेर नवी दिल्ली पावले . भारत आनी इराण मदल्या 75 वर्सांच्या इश्टागत आनी भागीदारीचो नियाळ घेवपाची ही संद आसतली अशें विदेश मंत्रालयाचे प्रवक्ते रणबीर जायसवाल हांणी सोशल मिडिया पोस्टवरवी सांगला.

भारतीय हवामान खात्यान फुडले 5 दीस वायव्य ईशान्य आनी मध्य भारतात गडगड आनी जोगला सयत पावस पडपाचो अदमास उक्तायला .तशेच ओडिशा, तमिळनाडू, पुडुचेरी, कराईकल, केरळ आनी माहेत उश्ण आनी दमट हवामानाची शक्यताय imd उक्ताल्या .

आयपीएल टी-20 क्रिकेट सरतित आयज सांजे 7:30 वरांचेर हिमाचल प्रदेशचे धर्मशाळेतल्या क्रिकेट मैदानार पंजाब किंग्स आनी दिल्ली कॅपिटल्स पगडा मजगती खेळ जातलो.